03.10.2025 @ 8.40 am

आकाशवाणी पणजी

भारत आणि चीनान ऑक्टोबरच्या अखेरीक दोनुय देशांमधी नियुक्त केल्या सुवातांक जोडपी थेट हवाई सेवा परत सुरू करपाक सहमती दर्शयल्या

रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन डिसेंबरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे वांगडा वर्सुकी शिखर सभे खातीर भारताक भेट दितले

प्रशासकीय सुधारणा आणि भौशिक कागाळ विभागान सुरू केल्या विशेष मोहीम ५.० क आज मंत्रालयांमधल्या वेगवेगळ्या विभागांनी व्यापक तयारी केल्या.

काल नॉर्वेच्या फोर्डे शारांत जाल्ले संवसारीक सर्तींत भारतीय वेटलिफ्टर मिराबाई चानू हांणी बायलांच्या 48 किलो विभागांत रुप्या पदक जिखलें.

China 110

भारत आणि चीनान ऑक्टोबरच्या अखेरीक दोनुय देशांमधी नियुक्त केल्या सुवातांक जोडपी थेट हवाई सेवा परत सुरू करपाक सहमती दर्शयल्या. परराष्ट्र मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला की, दोन्ही देशांचे नागरी विमान येरादारी अधिकारी थेट हवाई सेवा परत सुरू करण्याबाबत आणि सुधारित हवाई सेवा कबलातीचेर तांत्रिक स्तरार चर्चा करतात. भारत आणि चीनमधले संबंध हळूहळू सामान्य करपाच्या सरकारच्या दृष्टिकोनाचो एक भाग म्हणून या वर्साच्या सुरुवातीपासून हे करतात. या चर्चे उपरांत, दोन्ही देशांमधले नियुक्त वाहकांच्या व्यावसायिक निर्णयाच्या आणि सगळ्या ऑपरेशनल निकषांच्या पूर्ततेच्या प्रमाण, शियाळी हंगामाच्या वेळापत्रका प्रमाण थेट हवाई सेवा परत सुरू करपाचो निर्णय घेतला. परराष्ट्र व्यवहार मंत्रालयान म्हणला की, नागरी विमान येरादारी अधिकाऱ्यांची ही कबलात भारत आणि चीनमधल्या लोकाकडे संपर्क सुलभ करतली आणि द्विपक्षीय देवाणघेवाण हळूहळू सामान्य जावपाक हातभार लायतली

Story 40

सेवा आणि सुशासन, म्हणजेच भौशिक सेवा आणि सुशासन या मंत्रान मार्गदर्शित, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या फुडारपणाखाला सरकार परिवर्तन आणि प्रगती घडोवपाक अथक परिश्रम करता.मोदी सरकारान नक्षलमुक्त भारताचो मार्ग मेकळो करपाक फाटल्या ११ वर्सात डाव्या विचारसरणीच्या अतिरेकीपणाबद्दल शून्य-सहिष्णुतेचो दृष्टिकोन स्वीकारलो. ह्याच विशी खबरा विभागाचो हो खासा रिपोर्ट Byte Naxal Bharat seva

पुतीन 50

क्रेमलिनच्या म्हणण्या प्रमाण रशियेचे राष्ट्राध्यक्ष व्लादिमीर पुतीन डिसेंबरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे वांगडा वर्सुकी शिखर सभे खातीर भारताक भेट दितले. नव्या वर्सा पयलीं ही बसका जातली अशें क्रेमलिनाचे प्रवक्ते दिमित्री पेस्कोवान पुष्टी केल्या. 2022 वर्साचे सुरवेक युक्रेन संघर्श सुरू जाले उपरांत रशियन फुडाऱ्याची ही पयली भारत भेट आसतली.

GST 110

राष्ट्रीय ग्राहक हेल्पलायनीक GST 2.0 चेर 3,900 परस चड कॉल आयल्यात.नेक्स्ट-जनरेशन GST सुधारणा 2025 च्या अंमलबजावणीच्या फाटभुयेर राष्ट्रीय ग्राहक हेल्पलाइन (NCH) क GST 2.0 कडे संबंधित तीन हजार नऊशे परत चड कॉल आयले. गिरायक व्यवहार, अन्न आणि भौशिक वितरण मंत्रालयान निवेदनात म्हणला की, या कॉलात 31 टक्के कॉल प्रश्नांकडे संबंधित आसात तर 69 टक्के कागाळी कडे संबंधित आसात.

शाह 70

दर वर्सा उण्यांत उणें पांच हजार रुपया मोलाचीं खादी उत्पादनां विकतीं घेवचीं अशें आवाहन गृहमंत्री अमित शाहा हाणी जनतेक केलां. अशा उपक्रमाक लागून

लाखांनी लोकांक रोजगार मेळटलो आनी तांच्या जिवितांत उजवाड येतलो अशें तांणी म्हणले . नवी दिल्लींत खादी उत्पादनांचेर देशभर सवलतीची विक्री सुरू केल्या उपरांत पत्रकारां कडेन उलयतना तानी म्हणले कि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपल्या मन की बात कार्यावळी वरवीं स्वदेशीची कल्पना मुखार हाडल्या आनी ताका लागून देशांतल्या लोकांक अर्थीक उदरगती कडेन जोडपाची प्रेरणा मेळ्ळ्या.(बाइट - अमित शाह)

EC 60

मुख्य वेचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार आज नवी दिल्लीत बिहार विधानसभा वेचनुको आणि देशाच्या हेर भागात जावपी  पोटवेचनुका खातीर नवनियुक्त निरीक्षकांची बसका घेतले.  बिहार वेंचणुके खातीर वेंचणूक आयोगान नेमिल्ल्या सामान्य, पुलीस आनी खर्च ह्या केंद्रीय निरिक्षकांची एक माहितीपर  बसका नवी दिल्लींतल्या IIIDEM द्वारका हांगा जातली. मुखेल वेंचणूक आयुक्ताच्या फुडारपणा खाला वेंचणूक आयोगाचो पुराय पंगड फाल्यां आनी परवा बिहाराक भेट दिवन विधानसभा वेंचणुकेचे तयारेचो नियाळ घेतलो.

मोहीम ५.० 100

प्रशासकीय सुधारणा आणि भौशिक कागाळ विभागान सुरू केल्या विशेष मोहीम ५.० क आज मंत्रालयांमधल्या वेगवेगळ्या विभागांनी व्यापक तयारी केल्या. या मोहिमेचे उद्दिष्ट कार्यक्षमता सुधारप, प्रक्रिया सुलभ करप आणि नागरिक-केंद्रित प्रशासन मजबूत करप आसा. सगळ्या कार्यालयात स्वच्छता, फाइल व्यवस्थापन, कागाळ निवारण आणि ई- कोयर विल्हेवाट हाचेरय लक्ष केंद्रित केला. ही मोहीम या महिन्याच्या ३१ तारखे मेरेन आयोजित करतले. विशेष मोहीम ५.० च्या तयारीच्या टप्प्यात, कृषी आणि शेतकरी कल्याण विभागान, अन्न आणि भौशिक वितरण विभागान, भलायकि आणि कुटुंब कल्याण विभागान पुनरावलोकना खातीर वेंच्ल्यात.  आता, या महिन्याच्या अखेरीक हे विविध विभाग ह्या  सुवातांची

स्वच्छता करतले कागाळींचे निवारण करतले आणि प्रलंबित प्रकरणांचो आढावो घेतले

पारीख 70

ज्येष्ठ गांधीवादी, समाजवादी आणि स्वातंत्र्यसैनिक जी.जी. पारीख हांका काल वयाच्या १०० व्या वर्सा मुंबत मरण आयले. पारीख हांका त्यांच्या आयुष्यात दोनदा कादय भोगची पडली. पयली १९४२ त भारत छोडो आंदोलना वेळार आणि उपरांत आणीबाणीच्या काळात.सामाजिक कार्याखातीर त्यांचे समर्पण केन्नाच डळमळीत जाले ना. त्यानी भौशिक जीवनाची सुरुवात विद्यार्थी कार्यकर्ते म्हणून केली, १९४० च्या दशकाच्या सुरुवातीपासून सौराष्ट्र आणि मुंबईतल्या चळवळींत सक्रिय भाग घेतलो त्यांनी विद्यार्थी काँग्रेसच्या मुंबई युनिटचे अध्यक्ष म्हणून काम केले.

जयशंकर 50

काल नवी दिल्लींत परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर आणि नागरी विमान येरादारी मंत्री राम मोहन नायडू किंजरापु हाणी काल एअरबस आणि इंडिगोच्या उच्च अधिकाऱ्यां वांगडा उच्चस्तरीय बसका घेतली. या चर्चेचो केंद्रबिंदू भारताचे नागरी विमान येरादारी क्षेत्र मजबूत करप आणि भारत आणि युरोपमधले आर्थिक संबंध अधिक घट्ट करप आशील्ले

स्पोर्ट्स 100

काल नॉर्वेच्या फोर्डे शारांत जाल्ले संवसारीक सर्तींत भारतीय वेटलिफ्टर मिराबाई चानू हांणी बायलांच्या 48 किलो विभागांत रुप्या पदक जिखलें. चानून 84 किलो स्नॅच आणि 115 किलो क्लीन अँड जर्क सयत वट्ट 199 किलो वजन उखलून दुसरो क्रमांक मेळयलो. भांगरा पदक वट्ट 213 किलो वजन उखलपी कोरियाच्या

गतविजेत्या री सोंग-गमाक मेळ्ळें. ह्या म्हयन्याच्या 11 तारखेक सोंपपी चालू संवसारीक सर्तींत मिराबाई चानू भारताच्या 14 वांगड्याच्या पंगडाचें फुडारपण करता. भारतीय दादल्यांच्या पंगडाचें फुडारपण राष्ट्रकुल खेळां सर्तींत कांस्य पदक विजेतो लवप्रीत सिंग करतलो.

क्रिकेटांत आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर वेस्ट इंडीज आड जावपी दोन मॅचींचे मालिकेचे पयले कसोटी खेळात भारत 2 बाद 121 धांवड्यचेर आपलो पयलो डाव परत सुरू करतलो.

वेदर 70

भारतीय हवामान खात्यान आयज बिहारांत सामको दद्कानी  पावस पडपाचो रेड अलर्ट जारी केला. आयएमडीन आयज छत्तीसगढ, मध्य प्रदेश, उदेंत उत्तर प्रदेश, झारखंड, ओडिशा आनी अस्तंत बंगाल सयत ईशान्य भारतांत व्हड ते खूब व्हड पावस पडपाचो अदमास काडला. दर्यादेग आंध्र प्रदेश, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल ह्या वाठारांनीय व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.